# <u>आंतरराष्ट्रीय योगा दीस कार्यक्रम</u>

ता. 20 जून 2017

30 ज्येष्ठ 1939

सबंद संवसारात फाल्या ता. 21 जून दीसा 3 रो आंतरराष्ट्रीय योगा दीस पाटळले. भलायकी सेवा संचालनालय आनी खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयान फाल्या सकाळी 7.30 ते 9.30 वरांमेरेन बांबोळीच्या डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर राज्य स्थरीय कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं खेळामंत्री आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थीतीत कार्यक्रमाचे  उक्तावण जातले आनी उपरांत योगा प्रात्यक्षिकांक सूरूवात जातली.

योगाच्या प्रात्यक्षिक कार्यक्रमाक सरकारी कर्मचारी, शाळा-महाविद्यालयाचे विद्यार्थी मिळून सुमार एक हजार लोक सहभागी जातले. भलायकी सेवा संचालनालयान गोंयभर आंतरराष्ट्रीय योगा कार्यक्रमाचे आयोजन केला. लुसोफोनिया खेळा सभाघर पेडे म्हापसा, मल्टिपर्पज हॉल फातोर्डा, मल्टिपर्पज खेळा सभाघर बोरीमळ-केपे हांगाय सकाळी 7.00 ते 10.30 वरांमेरेन योगा कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

तशेंच राज्यातल्या 25 मुळाव्या भलायकी केंद्रांनी आंतरराष्ट्रीय योगा दीस कार्यक्रम जातलो. आर्ट ऑफ लिव्हिंग, पतंजली योग समिती, समर्पण ध्यान योगा समिती आनी हेर योगा संघटनाचे योगा शिक्षक योगाची प्रात्यक्षिका करपाक मदत करतले.

केंद्रीय आयुष मंत्रालयावतीन देशभर आंतरराष्ट्रीय योगा दीस कार्यक्रमाचे आयोजन केला. गोंयात जावपी आंतरराष्ट्रीय योगा दीस कार्यक्रमाचे आयोजन यशस्वी करपाखातीर सगळ्या लोकांनी, सरकारी खाती, शिक्षण संस्था आनी बिगर सरकारी संस्थांनी सहकार्य करचे.